# पोरणें गोंया फुकट दोळे तपासणी शिबीर जालें

ता. 23 नाव्हेंबर 2017
2 मार्गशीष 1939

वीजमंत्री श्री. पांडुरंग मडकयकार हांणी आयज ओल्ड गोवा पंचायत सभाघरात गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानाच्या तिसवाडी गटान आयोजित केल्ल्या फुकट दोळे तपासणी आनी वक्लां वाटपाच्या शिबीराचे उक्तावण केले.

महिला शक्ती अभियानाच्यो अध्यक्ष श्रीमती नॅली रॉड्रिग्स, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती महिमा देसाय, तिसवाडी गट समितीच्यो उपाध्यक्षा श्रीमती ज्योनिता डिकॉस्ता, सचिव श्रीमती सुप्रिया केरकर आनी मुंबयच्यान आयिल्ले डॉक्टर्स ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. मडकयकार हांणी प्रत्येकान आपल्या दोळ्यांची नेमान तपासणी करून घेवपाची गरज उक्तावन अशा शिबीराचे आयोजन केल्लेखातीर महिला शक्ती अभियान तिसवाडी गटाचे अभिनंदन केले आनी ह्या शिबीराचो लाव ओल्ड गोवा आनी कुंभारजूवा वाठारातल्या चडात चड लोकांक जातलो, अशी अपेक्षा व्यक्त केली.

महिला शक्ती अभियांनाच्यो अध्यक्ष श्रीमती नॅली रॉड्रिग्स हांणी अभियानावतीन राज्यात अशें तरेची 23 शिबीरा आयोजित करपात येतली आनी तांका लोकांकडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा अशें सांगले. अभियानावतीन गोडेमूत तपासणी, स्तन कॅन्सर तपासणी अशी शिबीराय आयोजित करपात येतली, अशेंय श्रीमती रॉड्रिग्स हांणी सांगले,

कु. बिंदीया परब हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. तिसवाडी गट समितीच्यो अध्यक्ष श्रीमती सुमन धुळापकर हांणी निमणे उपकार मानले.